Akashwani Panaji National news 8.40 am 3rd March 2026

Prez 110

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हाणी दिल्लीत, बायलांक चार येवजण्यो समर्पित केल्यो. या येवजण्यांमदी लखपती बिटिया योजना, सहेली पिंक स्मार्ट कार्ड, मेरी पूंजी मेरा अधिकार आणि मोफत LPG सिलेंडर योजना आसपावता. या वेळार उलयताना राष्ट्रपती मुर्मू हानी बायला समाजाची एक अ/परि/हार्य आधार/स्तंभ आसात अशे तानी अधोरेकीत केले. तांचो आ/दर आणि सक्षमीकरण हे सु/संस्कृत राष्ट्राचे खरे वैशिष्ट्य आसा. केंद्र सरकार उज्ज्वला योजना, बेटी बचाओ बेटी पढाओ आणि प्रधानमंत्री मातृवंदना योजना यासारख्या परिवर्तनकारी उपक्रमां वरवी बायला सक्षमीकरणा खातीर काम करता हाचेर राष्ट्रपती मुर्मू हाणी भर दिलो. Byte prez on women emp

नव्यान सुरू केल्या योजनांच्या परिणामांचेर विश्वास व्यक्त करताना, राष्ट्रपती मुर्मून हे उपक्रम राष्ट्रीय राजधानीतल्या बायलांमदी आत्मविश्वास निर्माण करतली आणि तांका नवीन उंचाय गाठपाक आणि वयर सरपाक प्रेरित करतली अशे तानीम्हुणले

Pm 128

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी अस्तंत आशियांतल्या परिस्थितीचेर युवराज आनी साउदी अरेबियाचे प्रधानमंत्री मोहम्मद बिन सलमान हांचे कडेन दूरध्वनी संवादांतल्यान चर्चा केल्या. साउदी अरेबियाचेर हालीं जाल्ल्या हल्ल्याचो प्रधानमंत्री मोदी हाणी निशेध करून तांकां सार्वभौमत्व आनी प्रादेशिक अखंडतेचो भंग अशें म्हणलें. सोशल मिडियाचेर तांणी केल्ल्या पोस्टांत प्रादेशिक शांतताय आनी स्थिरताय परतून हाडप हें सगळ्यांत चड म्हत्वाचें अशें दोनूय वटांनी मान्य किल्ल्याचे तांणी सांगलें. बहरीनचो राजा हमद बिन ईसा अल खलीफा हांचे कडेनय टेलिफोनीक संवाद सादलो. बहरीनाचेर जाल्ल्या हल्ल्याचो निशेध करतना, ह्या कठीण वेळार भारत आपल्या लोकां कडेन एकचारान उबो रावता. देशांतल्या भारतीय समाजाक दिल्ल्या खर आदाराक लागून प्रधानमंत्री मोदी हाणी बहरीनच्या राजाचे उपकार मानले. तशेंच प्रधानमंत्री जॉर्डनाचे राजा अब्दुल्ला हांचे कडेन उलयतना ह्या वाठारांतल्या विकसीत जावपी परिस्थितीचो हुस्को उक्तायलो.

PM – WEBINAR 70

अर्थीक वाड तिगोवन दवरप आनी वाडोवप ह्या विशयाचेर आयज अर्थसंकल्पा उपरांतच्या वेबिनारांत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी व्हिडियो परिशदेवरवी मार्गदर्शन करतले. अर्थसंकल्पा उपरांतच्या वेबिनारांत उद्देगीक पावणी वाडोवपा खातीर, तंत्रीक फुडारपण खोलायेन वाडोवपा खातीर आनी मुखेल क्षेत्रांची बुन्याद घटमूट करपा खातीर फुडल्या सुदारणांचेर भर दितले अशी म्हायती प्रधानमंत्री कार्यालयान दिल्या. ह्या प्राधान्यांचें प्रभावी कृतींत रुपांतर करपाचेर चर्चा जातली. तांकां उद्देगांतल्या भाग घेवप्यांच्या अंतर्दृष्टी वरवीं मार्गदर्शन करतले, जांचो अणभव चड प्रभावी अंमलबजावणीक आदार दितलो.

अमेरिके वांगडा जोड कारवाय करून इराणाच्या 31 प्रांतांतल्या 24 प्रांतांचेर 1200 परस चड युद्धसामग्री सोडल्या अशें इझ्राएल हवाई दळान सांगलां. बहरीन, इराक, जॉर्डन, कुवेत, ओमान, कतार, साउदी अरेबिया, युएई ह्या सारक्या णव देशांनी इराणान हल्ले केल्यात. रेड क्रिसेंटाच्या म्हणण्या प्रमाण अमेरिका इझ्राएलाच्या जोड हल्ल्यांत इराणांत 555 जाणांक मरण आयलां. सगळ्यांत वायट हल्लो मिनाबांतल्या चलयांच्या मुळाव्या शाळेचेर जालो आनी सुमार 180 भुरग्यांक मरण आयलें. इराणाचो सर्वेस्त सर्वोच्च फुडारी अली खामेनी हाच्या बायलेकूय मरण आयिल्ल्याची म्हायती इराणी सरकारी माध्यमांनी दिल्या. इझ्राएलांत इराणी बॅलिस्टीक क्षेपणास्त्रान बेत शेमेशाचेर धको दिल्ल्यान णव जाणांक मरण आयलें आनी 20 परस चड जखमी जाले. कुवेतांत इराणी हल्ल्यांत चार अमेरिकी सैनिक मेले आनी पांच गंभीर जखमी जाले. बहरीनांत सलमान उद्देगीक शारांतल्या एका तारवाचेर क्षेपणास्त्रांचो ढीग पडून एका आशियाई कामगाराक मरण आयलें. जुर्फ अल सखेर तळाचेर जाल्ल्या हल्ल्यांत दोन सैनिक मेले आनी पांच जखमी जाल्यात अशें इराकी माध्यमां आनी कटाइब हिजबूल्लान सांगलें. कुवेत आंतरराष्ट्रीय विमानतळार ड्रोन हल्ल्यांत एकल्याक मरण आयलें आनी 32 जाण जखमी जाल्यात. लेबनानांत हिजबूल्लान इझ्राएलाचेर क्षेपणास्त्रां उडयल्या उपरांत इझ्राएलाच्या प्रतिकार हल्ल्यांत उण्यांत उणे 52 जाणांक मरण आयलां आनी 154 जखमी जाल्यात अशें लेबनानाच्या भलायकी मंत्रालयान सांगलां. लेबनान सरकारान हिजबूल्लाच्या लश्करी कारवायांचेर बंदी घाल्या.

98 airline

अस्तंत आशियांत चालू आशिल्ले परिस्थिती मदीं आयज विमान सेवा दिवपाची येवजण आशिल्लीं 357 विमानां रद्द केलीं. प्रवाशांक विसव मेळचो हे खातीर ह्या वाठारांतल्या परिस्थितीचेर बारीकसाणेन नदर दवरतात अशी म्हायती सोशल मिडियाचेर नागरी विमान मंत्रालयान दिल्या. प्रवाशांच्या कागाळींचेर प्रवासी मजत नियंत्रण कक्षांतल्यान नियंत्रण दवरतात, प्राधान्याचेर बेगोबेग निवारण करपाची खात्री करतात अशें तातूंत म्हणलां. मंत्रालयान मुखार ह्या काळांत एअरसेवा, सोशल मिडिया प्लॅटफॉर्म, आनी समर्पीत हेल्पलायन कॉल वरवीं, विमान कंपन्यो आनी संबंदीत भागधारकां कडेन समन्वय सादून वट्ट 559 कागाळींचेर उपाय काडल्यात. तशेंच रद्द करप आनी परतून वेळापत्रक करपा संबंदी अचूक अद्ययावत म्हायती खातीर अधिकृत विमान कंपनी चॅनल तपासपाचो सल्लो प्रवाशांनी दिला.

94 LEBANON

लेबाननाची राजधानी बेरूत शारांत पॅलेस्टायन इस्लामिक जिहादचो सेनापती PIJ अबू हमजा रामी हाका मरण आयिल्ल्याचें इझ्राएल संरक्षण दळानIDF आयज सांगलें. अबू हमजा रामीक काडून उडयल्ल्यान इझ्राएलाचेर कारवाय करपाची PIJ तांक खूब उणी जाल्या अशें आयडीएफान एका निवेदनांत म्हणलां. अबू हमजा रामी हांणी आयडीएफ सैन्य आनी इझ्राएल नागरीकांचेर शेंकड्यांनी हल्ले केल्यात, तातूंत हल्लेखोरांक भरती करून प्रशिक्षण दिवप आनी शस्त्रां मेळोवप हांचो आस्पाव जाता. आनीक एका हल्ल्यांत इझ्राएल सैन्यान बेरूतांतल्या हिजबूल्लाच्या गुप्तचर मुखेल कार्यालयाचो मुखेली हुसेन मकलेड

हाकाय जिवेशीं मारलो. हालींच लेबाननांतल्यान इझ्राएलाक उडयल्ल्या रॉकेटांक जाप दितना इझ्राएलांतल्यान हे हल्ले जाल्यात अशें आयडीएफान एका निवेदनांत म्हणलां.

172 railway

सगळ्या रेल्वे वाठारणी नियोजन आनी समन्वयात्मक अंमलबजावणी करून देशभरांतल्या प्रवाशांक होळी महोत्सवा खातीरसुरक्षित  घरा वचूंक मेळचे हाची खात्री भारतीय रेल्वेन केल्या. उत्तर रेल्वेन दिल्ली वाठारांतल्या मुखेल स्टेशनां वयल्यान खास करून होळी मनयपा खातीर देशाच्या उदेंत वाठारांनी वचपी प्रवाशांची विस्तारान वेवस्था केल्या. फाटल्या पांच दिसांत सुमार 14 लाख प्रवासी दिल्ली वाठारांतल्यान आयल्यात. मुखेल स्टेशनां वयल्या प्रवाशांच्या धांवपळयेचेर सतत नदर दवरपाचेर आदारून आयज 22 खाशेल्यो गाडयोय चालिक लावपाची येवजण आसा. प्रवाशांची सुगम आनी सुरक्षीत प्रवासाची खात्री करपा खातीर उत्तर रेल्वेचे अधिकारी दिल्ली वाठारांतल्या मुखेल स्टेशनां वयल्यान गर्दीचे परिस्थितीचेर सतत नदर दवरतात.

Imd  50

भारतीय  हवामान खात्यान आयज अरुणाचल प्रदेश, आसाम आनी मेघालयात  वीज पडपा वांगडा गडगड येवपाचो  अदमास उक्तायला . आयज सिक्किमात  सकाळच्या वेळार दाट धुक्याची परिस्थिती आसतली अशें हवामान खात्यान कळयला .

Sports 74

युवा वेव्हार आनी खेळां राज्य मंत्री रक्षा निखिल खडसे हांणी नवी दिल्लींत इंस्पायरींग वुमेन थ्रू ऍक्शन (आस्मिता) लीगच्या अचीविंग स्पोर्ट्स मायलस्टोनाची खाशेली आवृत्ती जाहीर केल्या.